आकाशवाणी पणजी
राष्ट्रीय खबरो

12.02.2026 6.30 pm

आज सकाळी प्रश्नोत्तराच्या वरा वेळार विरोधकांच्या बोवाळाक लागुन लोकसभा दनपार मेरेन तहकूब केली. सभाघर दिसभरा खातीर सुरू जाले तेन्ना पीठासीन अधिकारी कृष्णा प्रसाद टेनेटी हाणी प्रश्नोत्तराचे वर सुरू करपाचो प्रयत्न केलो पुण काँग्रेस, तृणमूल काँग्रेस आणि द्रमुक आणि हेर विरोधी सदस्यांनी सभावेदी म्हऱ्यांत वचुन घोषणाबाजी सुरू केली. बोवाळाच्या वातावरणात, ऊर्जा राज्यमंत्री श्रीपाद येसो नाईक यांनी वीज क्षेत्रातले एकूण तांत्रिक आणि व्यावसायिक नुकसानाकडे संबंधित प्रश्नाची जाप दिवपाचो यत्न केलो

कामकाजात आडमेळी आयिल्यान नाईक त्यांची जाप पूराय करूक शकले ना. पीठासीन अधिकाऱ्यांनी नि/दर्शक सदस्यांक सभागृहाचे कामकाज सुरू दवरपाचे आणि प्रश्नोत्तराचे वर सुरू करपाचे आवा/हन केले. सभागृहात फलक हाडप नियमां विरुद्ध आसा अशे तांणी सांगले

केंद्रीय मंत्री प्रल्हाद जोशी यांनी आज लोकसभेचे विरोधी पक्ष फुडारी राहुल गांधी सभागृहात तथ्या वा पुरावे सादर कर नासताना विधानां करता असो आरोप केला. संसदेच्या वाठारात पत्रकारांकडे उलयताना ताणी म्हणाले की, राहुल गांधीं/आडच्या विशे/षा/धिकार प्रस्तावा/बाबत निर्णय घेवप संसदीय कामकाज मंत्रालयाचे आसा. राहुल गांधी सभागृहात आसु वा सभा घरा भायर ते, अ/परी/पक्व वागता

राज्यसभेत आज केंद्रीय अर्थसंकल्प २०२६-२७ चेर चर्चा परत सुरू झाली. अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण यांनी या महिन्याच्या १ तारखेक संसदेत केंद्रीय अर्थसंकल्प सादर केल्लो. चर्चेत भाग घेत भाजप फुडारी मदन राठोड हाणी म्हणाले की, भारताची अर्थव्यवस्था जगातली चौथी सगळ्यात व्हड अर्थव्यवस्था जाल्या. मोबाईल उत्पादन क्षेत्रात भारत आता जगात दुसऱ्या क्रमांकाचो मोबाईल फोन उत्पादक देश जाला अशे सांगुन , आदी फक्त दोन मोबाईल उत्पादन युनिट आशिल्ली पुण आज भारत मोबाईल फोन निर्यात करपाच्या स्थितीत आसा अशे राठोड हांणी म्हणले. आदी देशातल्या सुमार १८ हजार गावांनी वीज नशिल्ली पुण नरेंद्र मोदी सरकारान या गावांनी वीज उपलब्ध करून दिली. वेपार संघटना आनी ताचे विशयी आसलेले पोरणे ३ कायदे काडून एक सामायिक कायदो लागु करपाचो प्रस्ताव सभाघरात केंद्रीय मंत्री मनसुख मांडविया हाणी मांडलो

सरकार शिक्षण क्षेत्रात कृत्रिम बुद्धिमत्ता (एआय) चे एकत्रीकरण सक्रियपणान घटमुट करता अशे शिक्षण मंत्री धर्मेंद्र प्रधान , हाणी म्हणला. राष्ट्रीय राजधानीत भारत बोधन एआय कॉन्क्लेव्ह २०२६ त उलयताना त्यांनी नमूद केले की भारताच्या शैक्षणिक परिसंस्थेत एआय वेले काम नेटान मुखार वता आणि देशात घटमुट आणि भरपुर प्रतिभा आशिल्ले समूह आसा. एआयक यत्ता तिसरी सावन प्रगत संशोधन स्तरां वरवी भारताच्या शिक्षण चौकटीत आसपावन घेतले. फक्त अभ्यासाचो विषय म्हणूनच न्हय तर संशोधन थीम, नवोपक्रमाचे मॉडेल आणि संप्रेषण धोरण म्हणूनय आसतले अशे मंत्री उलयले

भारतीय हवामान विभागान मुखावेल्या तीन ते चार दिसांत जम्मू-काश्मीर, लडाख, हिमाचल प्रदेश, उत्तराखंड आणि अरुणाचल प्रदेशात कांय सुवातानी पावस आणि बर्फवृष्टीचो अदमास दिल. हवामान विभागा दोन दिसांत मेघालय आणि हिमाचल प्रदेशात काय कडे दाट धुक्याची परिस्थिती उरपाचो अदमास दिला. . कर्नाटकच्या दर्या भागात फाल्या उष्ण आणि दमट हवामान उरपाची शक्यता आसा

आयसीसी टी-२० विश्वचषक गट सीत वेस्ट इंडिजान इंग्लंडाचेर ३० धावड्यांनी विजय मेळयलो. दुसऱ्या खेळात, गट ब च्या खेळात ऑस्ट्रेलियेन आयर्लंडाचेर सदूसष्ट धावड्यांनी जैत जोडले तर तिसऱ्या खेळात, जाल्या रोमांचक दोट्टी सुपर ओव्हर खेळात दक्षिण आफ्रिकेन अफगाणिस्तानाक हारायले.